**गोंय लोक सेवा आयोग**

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी', पयलो माळो, दादा वैद्य मार्ग, पणजी-गोंय 403001

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**<u>जायरात क्रमांक 8, वर्स 2017</u>**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25.08.2017 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी/ विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमुद केल्ल्या प्रमाणें, आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. <u>मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था</u>

**1.निदानीक मानसशास्त्रज्ञ (Clinical Psychologists) ..........4 पदां (1 पद हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत आनी 1 पद शारिरीक अंपगुळाक आरक्षीत(अस्थीरोग अपंगूळ)**

**वेतन श्रेणी:** रु. 15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक-** (i)मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्सम, मानसशास्त्र विशयांत मास्टर पदवी (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्या/संस्था वा तत्सम हातूंत तत्वज्ञानांत (निदानीक मानसशास्त्रज्ञ) मास्टर पदवी वा वैजकी वा समाज मानसशास्त्रांत डिप्लोमा (दोन वर्सांचो कोर्स). (iii) मानसशास्त्र वा निदानीक मानसशास्त्र वा वैजकी आनी समाज मानसशास्त्र, जातूंत मानसशास्त्रीय चांचणी वा सल्लागार क्षेत्रांत 2 वर्सांचो कामाचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्सम हातूंत संबंदीत क्षेत्रांत डॉक्टरेट. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## II.उच्च शिक्षण संचालनालय

**2. सरकारी महाविद्यालयांत भुगोल विशयांत सहाय्यक प्राध्यापक .......1 पद (हेर मागास वर्गियांक आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रु. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन टप्पो 10 प्रमाणें)
**पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यकः** (i) भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत मास्टर पदवी पांवड्याचेर उण्यांत उणे 55 टक्के गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी)/राज्य स्थरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तीची आसतली.पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी दिल्ल्या वा मेळ्ळया जी “विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पद्दत), नियमन 2009 चें पालन करून दिलां, तांकां महाविद्यालयांत सहाय्यक प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वेल्या पदां खातीर भरती वा नेमणूक करतना एनईटी/एसईटीची किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली” (iii) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक** – (i) संबदीत विशयांत पीएच.डी वा एम.फील ii)मराठीचें गिन्यान.

## III. कार्मिक खातें

**3. मामलेतदार/जोड मामलेतदार/नागरी पुरवण सहाय्यक संचालक......7 पदां (1 पद हेर मागास वर्गियांक आरक्षीत आनी 2 पदां शारिरीक अपंगुळांक आरक्षीत (1- आयकुपाची अपंगुळताय आनी 1- अस्थीरोग अपंगूळ)**

**वेतन श्रेणी: रु.** 9,300-34,800+4,**600**/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक**: (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी (ii)थळावो महसूल कायदो, कायदो आनी आदेशाच्या पालनाचो सत्ताधारी कायदो, नियोजन आनी विकास कार्य आनी भौशीक वितरण सेवेचें गिन्यान.(iii) कोंकणीचें गिन्यान

**ऐच्छिकः** मराठीचें गिन्यान

## IV.कौशल्य विकास आनी उद्योजकताय संचालनालय

**4. प्राचार्य, कनिश्ठ श्रेणी........ 1 पद (हेर मागास वर्गियांक आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी: रु.** 9,300-34,800+4,800/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन टप्पो 8 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक**: (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान अभियांत्रिकी पदवी. (ii) 5 वर्सांचो वेव्हारीक अणभव, जातूंत 2 वर्सां, प्रशासन वा मानवी संसाधन वेवस्थापनाचो अणभव आसूंक जाय.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान

**ऐच्छिकः** मराठीचें गिन्यान